**6.30 pm** **26th October 2025**

Mkb

छठचो भव्य उत्सव संस्कृताय, सैम आनी समाज हांच्या खोल एकचाराचें प्रतिबिंब आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज सांगलें. आकाशवाणीचेर मन की बात कार्यावळींत उलयताना प्रधानमंत्री हांणी छठाच्या निमतान सगळ्यांक, खास करून बिहार, झारखंड आनी पूर्वांचलांतल्या लोकांक परबीं दिली. भारताच्या समाजीक एकचाराची सगळ्यांत सोबीत देख आशिल्ल्या छठ घाटाचेर समाजाचो दरेक वर्ग एकठांय येता हाचेर तांणी भर दिलो.ऑपरेशन सिंदूरान दरेका भारतीयाक अभिमानान भरला असो उल्लेख मोदी हाणी केला. ह्या निमतान माओवादी दहशतवादाचो परिणाम जाल्ल्या वाठारांनी लेगीत खोशयेचे दिवे पेटयले अशें तांणी सांगलें. आपल्या भुरग्यांच्या फुडाराक धोको निर्माण करपी माओवादी आतंकवाद लोक पुरायपणान ना करपाक सोदतात अशें तांणी सांगलें. जीएसटी बचत महोत्सवा संबंदीं लोकां मदीं आशिल्ली उमेद पळोवन तांकां खोशी जाली जाली अशे म्हणला

सरदार वल्लभभाई पटेलाची जयंती 31 ऑक्टोबराक मनयतले.दर वर्सा गुजरातांतल्या एकतानगरांतल्या 'एकता पुतळ्या' लागसार ह्या निमतान खाशेले सुवाळे घडोवन हाडटात अशें मोदी हांणी सांगलें. सरदार पटेलाचो 150वो जल्मदीस हो पुराय देशा खातीर एक सामको खाशेलो प्रसंग अशें मोदी हांणी भर दिलो. सरदार पटेल हो आर्विल्ल्या काळांतलो एक व्हड नायक आनी ताच्या उंचल्या व्यक्तीमत्वांत जायते गूण आस्पावतात अशें तांणी सांगलें.**byte**

भारताच्या राष्ट्रगीत - वंदे मातरम ह्या विशयाचेरूय प्रधानमंत्री उलयले. देशभक्ती ही उतरां भायर आशिल्ली भावना आनी त्या अमूर्त भावनाक ठोस रूप दिवपी गीत वंदे मातरम अशें तांणी सांगलें. शेंकड्यांनी वर्सां गुलामगिरीक लागून दुबळें जाल्ल्या भारतांत नवें जिवीत निर्माण करपाखातीर बंकिमचंद्र चॅटर्जी हाणें वंदे मातरम रचलें. वंदे मातरम हें एकुणिसाव्या शेंकड्यांत बरयल्लें आसूं येता, पूण ताची भावना हजारांनी वर्सां पोरन्या भारताच्या अमर चैतन्याक जोडिल्ली आसा अशें मोदी हांणी सांगलें.

Shah

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी आयज स्वातंत्र्यसेनानी आनी समाजसेवक बैकुण्ठभाई मेहताच्या जयंतीनिमित्त स्मरण केले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत गृहमंत्र्यान देशांतल्या सहकारी चळवळीचो एक मुखेल प्रणेत्यांपैकी एक

म्हूण बैकुण्ठभाई मेहताची तोखणाय केल्या. सहकारी बँको, शेतकी सहकारी संस्था, गिरायक सहकारी संस्था हांची बुन्याद घटमूट करपाक मेहतान म्हत्वाची भुमिका साकारल्या अशें तांणी सांगलें.

डिस्लेक्सिया

शिक्षण सचीव संजय कुमार आनी दिव्याग व्यक्तीं सशक्तीकरण खात्याचे सचीव राजेश अग्रवाल हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या विजय चौक ते इंडिया गेट मेरेनच्या डिस्लेक्सिया वॉकाक पांचवो बावटो दाखयलो. राष्ट्रीय डिस्लेक्सिया जागृताय म्हयन्याच्या मोहिमेचो  एक भाग म्हूण आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळीचो हेतू डिस्लेक्सियाची समज वाडोवप, बेगीनच वळखुपाक चालना दिवप आनी समावेशक शिक्षणाचें म्हत्व उक्तें करप. प्रसार माध्यमांक संबोधीत करतना संजय कुमार हांणी प्रभावी आदार आनी उपचारा खातीर शिकपाच्या अडचणींची जागृताय आनी ते वेळार वळख करप गरजेचें आसा अशें स्पश्ट केलें. भुरग्यांच्या शिकपाचे पद्दतीचेर नदर दवरची आनी वाचपाक वा बरोवपाक कसलीच अडचण आयल्यार फाटीं सरनासतना तज्ञांचो सल्लो घेवचो अशें तांणी पालकांक आवाहन केले

चेस

बुद्धिबळात, भारतीय ग्रँडमास्टर गुकेश डोम्मराजू आणि दिव्या देशमुख हाणी हालीच जाल्या २०२५ च्या युरोपियन बुद्धिबळ क्लब कप सरतीत  प्रत्येकी दोन भांगरा पदका जिंकली.सुपर बुद्धिबळ संघा वतीन जावपी  ग्रँडमास्टर डी गुकेश आणि बायला विश्वचषक विजेती दिव्या देशमुखान  सर्कल डी'एचेक्स डी मोंटे-कार्लो वतीन  खेळताना बायला स्पर्धेत सांघिक अजिंक्यपद जिंकले.